# साई सहाय्यता संघटनेवतीन नितळसाण मोहिम

ता. 18 ऑगस्ट 2021

समाजातल्या प्रत्येक तरणाट्यान पर्यावरणाचो सांबाळ करपाक आनी आपलो वाठार नितळ दवरपाखातीर फुडाकार घेवपाक जाय. पाळीच्या साई सहाय्यता संघटनेन आपल्या सामाजीक कार्याचो एक भाग म्हुण 75व्या भारतीय स्वातंत्र्य दिसा दिवचल तालुक्यातल्या तोर्ल तळे पाळीच्या सातेरी देवस्थान प्राकारात आनी सरभोवतणच्या वाठारांत श्रमधानातल्यान नितळसाण केली.

संघटनेचे अध्यक्ष श्री. प्रणय गावडे आनी सदस्यांनी सातेरी देवस्थानच्या सरभोवतणच्या वाठारांतली झाडां-झुडपां कापली आनी कोयर एकटाय करून वाठार नितळ केलो.

नागरिकांनी समाजाप्रती आपले कर्तव्य आनी जबाबदारी वळखून काम करपाची गरज उक्तावन श्री. प्रणय गावडे हांणी साई सहाय्यता संघटना सदाच समाजाच्या बऱ्याखातीर काम करीत आयिल्ली आसून येणाऱ्या काळात कॅरियर मार्गदर्शन , जागृताय कार्यक्रम ह्या सारखे वेगवेगळें कार्यक्रम आयोजीत करपाची संघटनेची येवजण आसा, अशें सांगलें. साई सहाय्यता संघटनेची स्थापना नोव्हेंबर 2015 त जाल्ली आनी फाटल्या पाच वर्सांत संघटना समाजाच्या विकासाखातीर संस्कृती, खेळ, समाज कल्याण तशेंच युवक, बायलां आनी ज्येश्ट नागरिकांमदी जागृताय करपाचे उपक्रमं आयोजीत करता.

तशेंच संघटनेन लोकांमदी सरकारी कार्यक्रम आनी येवजणांविशीं जागृताय करपाखातीर अनेक कार्यक्रम आयोजीत केल्यात. संघटनेन समाजातल्या गरजू विद्यार्थ्यांक पुस्तकांचे वाटप केला तशेंच धावी आनी बारावीच्या विद्यार्थ्यांचो गौरव केला.

गोंय पर्यटन विकास म्हामंडळाचे संचालक श्री. दिपराज प्रभू हेवूय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji